**रक्षा मंत्री श्री राजनाथ सिंह हांचे हस्तुकीं नेव्हल वॉर कॉलेजच्या नव्या प्रशासकीय आनी प्रशिक्षण इमारतीचें उक्तावण**

5 मार्च 2024

रक्षा मंत्री श्री राजनाथ सिंह हांणी आयज आयएनएस मांडवी, वेरे हांगा नेव्हल वॉर कॉलेजच्या नवीन प्रशासकीय आनी प्रशिक्षण इमारतीचे उक्तावण केले. नेव्हल वॉर कॉलेजच्या आधुनिक वास्तूचे 'चोला' अशें नामकरण करून प्राचीन भारतातल्या चोला राजघराण्याच्या पराक्रमी सागरी साम्राज्याक आदरांजली ओपल्या. आपल्या भाशणात रक्षा मंत्री श्री राजनाथ सिंह हांणी जागतिक दर्जाच्यो अत्याधुनिक प्रशिक्षण सुविधा निर्माण केल्ले खातीर नौदळाची तोखणाय केली आनी अशां सुविधांक लागून संवसारांतल्या सागरी सामर्थ्यांमदी भारताची तांक वाडील्ल्याचे सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, नौदळ प्रमुख ॲडमिरल आर हरी कुमार, मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

श्री राजनाथ सिंह हांणी चोला भवन हे नौदळाच्या आकांक्षांचे प्रतीक आनी भारताच्या सागरी विकासाचो वारसो आशिल्ल्याचे म्हणले. गुलामगिरीच्या मानसिकतेतल्यान भायर सरपाच्या आनी आमच्या समृद्ध इतिहासीक वारशाचो अभिमान दिसपी भारताच्या नव्या मानसिकतेचे हे प्रतीक आसा. प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखालच्या केंद्र सरकारान सागरी सीमा मजबूत करपाचेर भर दिल्लो आसा. हिंद महासागर वाठारांत आमच्या दुस्मानांच्यो वाडिल्ल्यो हालचाली आनी ह्या क्षेत्राचे वेवसायिक म्हत्त्व लक्षात घेवन ह्या क्षेत्रातल्या धोक्याच्या शक्यतायेचे पुनर्मूल्यांकन करून त्या प्रमाण आपले लष्करी संसाधन वाडोवप आनी धोरणात्मक गजालींचेर लक्ष दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार श्री राजनाथ सिंह हांणी कारवार हांगाच्या नौदळ तळाच्या दोन धक्क्यांचे व्हर्च्युअल पद्दतीन उक्तावण केले. ह्या धक्क्यांचेर दोन विमानवाहू जहाज आनी एक लँडिंग शिप टँक बर्थिंग करपाची सुविधा आसा.

रक्षा मंत्री हांणी भारत देश आपल्या सागरी शेजारी देशांवांगडा आर्थिक आनी सुरक्षा सहकार्य मजबूत करपा खातीर वचनबद्ध आशिल्ल्याचे सांगून सागरी क्षेत्रातल्यान जावपी तस्करी आनी हेर कारवायों आडावपाक भारतीय नौदळ शेजारच्या देशांकय मजत करता, अशें सांगलें. सागरी वाठारांतले सुरक्षा वातावरण बळकट करून चाचेगिरी आनी तस्करीआड कडक कारवाय करून भारतीय नौदळान संवसारीक पांवड्यार आपली तांक सिद्द केल्ले खातीर तांणी नौदळाची तोखणाय केली.

ह्या वेळार श्री राजनाथ सिंह हांणी कारवार हांगाच्या नौदळ तळाच्या दोन धक्क्यांचे व्हर्च्युअल पद्दतीन उक्तावण केले. ह्या धक्क्यांचेर दोन विमानवाहू जहाज आनी एक लँडिंग शिप टँक बर्थिंग करपाची सुविधा आसा.

नौदळ प्रमुख ॲडमिरल आर हरी कुमार हांणी येवकाराच्या भाशणात सागरी क्षेत्रांतल्या सुरक्षा आव्हानांची म्हायती दितना अशां आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर उच्च आनी आधुनिक लष्करी शिक्षणाची गरज उक्तायली आनी नवीन प्रशिक्षण सुविधा ही गरज पुर्ण करपाक शकतली, अशें सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/155

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.